Prabodhan Education Society's

Vidya Prabodhini College of Commerce, Edu. Comp. and Mgmt., Parvari Goa

SYBABED SEMESTER END ASSESSMENT JANUARY 2022

**KONKANI ELECTIVE – (POETRY AS A LITERARY FORM)**

**Semester:** III **Duration:** 2 Hours **Max Marks:** 70

सुचोवण्यो

- सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.
- प्रस्ना सामकार दरेका प्रस्नाचे गूण बरयल्यात.
- नवी जाप नव्या पानार बरोवची.

---

प्रस्न.1. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(2x 6= 12)**

1. वेगवेगळ्या व्याख्यांच्या आधारान कवितेची संकल्पना स्पश्ट करात.
2. कवितेच्या प्रकाराची वळेरी दिवन खंयच्याय आठ प्रकारांचेर खोलायेन बरयात.
3. कविता हया साहित्यप्रकाराच्या घटकांचेर खोलायेन उजवाड घालात.

प्रस्न 2. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(3x4 =12)**

1. 'वादळमोडां' ह्या कवितेंत कवी वादळमोडां आमकां सदचींच जाल्यांत अशें कित्याक म्हणटा?
2. 'कविता एका –जनअरण्याची' ह्या कवितेंवरवी कवी आमकां कितें सांगता?
3. कावळ्याची आनी मनशाची जिणेची तुलना 'कावळयाचो मरण सुवाळो' ह्या कवितेंत कशीं केला ?
4. 'अजून वाट चलची आसा' ह्या कवितेंतलो आशावाद स्पश्ट करात.

प्रस्न 3. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** वाक्यांचें संदर्भा सयत स्पश्टीकरण बरयात. **(3 x4 =12)**

1. "भिजली साडी, भिजली चोळी
   भिजलो काजळ कांठ"
2. " जात ना पात ना
   धर्मांच्यो वण्टी नात
   शिगम्याच्या मांडार
   सगळ्यांचोच रंग जाय
   असो म्हाका गांव जाय"
3. "आतां ताची थांबली तडफड
   तरींय प्रवास चालूच"
4. " आवय म्हणांक लागली
   पयली मोग करुंक शीक
   मगेर लिवंक शीक"

प्रस्न 4. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (3 x4 =12)

1. 'काव्यफुलां' ह्या कविता संग्रहांत मोगाची भावना उक्तावपी कवितांचेर भाश्य करात.
2. 'काव्यफुलां' ह्या कविता संग्रहांत सामाजीक प्रस्नांचेर बडी मारल्या. भासाभास करात.
3. 'हांव सुदेश लोटलीका'र ह्या कवितेचो आशय तुमच्या उतरांनी बरयात.
4. 'एक कविता' ह्या कवितेंत कवी कसलें दुख्ख व्यक्त करता?

प्रस्न.5 अ) सकयल दिल्ल्या उताऱ्याचो **इंग्लिशींत** अणकार करात. (1 x 6 = 6)

हेमा पुंडलीक नायक हांचो जल्म गोंयांत मडगांव शारांत जालो. वीस वर्सां बँकेत नोकरी करुन तांणी नोकरी सोडली. कोंकणी साहित्याच्या मळार खासा बायलां खातीर चित्रंगी नेमाळेमं चलोवन,बायलांचे मेळावे आयोजीत करुन तांची प्रतिनिधीक आनी स्वतंत्र साहित्य रचनांची पुस्तकां उजवाडा हाडपाचो वावर केला.तांणी पसय आनी दुर्गावतार हें दोन कथा संग्रह आनी निर्बळा आनी मुक्ती हें दोन नवलिका उजवाडाक हाडल्यात. भोगदंड ही तांची म्हत्वाची कादंबरी जावन आसा आनी ह्याच साहित्यकृती खातीर तांकां साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जालां.

ब) सकयल दिल्ल्या उताऱ्याचो **कोंकणींत** अणकार करात. (1 x 6 = 6)

**Damodar Mauzo** (born 1 August 1944) is a Goan short story writer, novelist, critic and scriptwriter in Konkani. He was awarded the Jnanpith Award (India's highest literary honour) in 2021. Sahitya Akademi Award in 1983 for his novel *Karmelin* and the Vimala V. Pai Vishwa Konkani Sahitya Puraskar award for his novel *Tsunami Simon* in 2011. His collection of Short stories *Teresa's Man and Other Stories from Goa* was nominated for the Frank O'Connor International award in 2015. He has served as a member of the executive board, general council, as well as the finance committee of the Sahitya Akademi.

प्रस्न 6 अ) शुध्दलेखनाच्या नेमांप्रमाण उतारो शुध्द करुन बरयात. (1 x 5 = 5)

अ.गोपू गरातल्यान बायर सरुन घेलो आनी परठ आयलोच ना. देलून हाव ताक पलोवपाख गेल्लो.

ब) सकयल दिल्लीं उतरां शुध्दलेखनाच्या नेमांप्रमाण उतारो शुध्द करुन बरयात. . (1 x 5 = 5)

1. माका 2. दिस 3. वलख 4कालोख 5. सांगाति